# पर्यटन मंत्र्याहस्तूकीं पेडण्या ट्रान्सफॉर्मराचे उक्तावण

ता. 4 सप्टेंबर 2018
13 भाद्रपद 1940

पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी काल मुर्डी देवसू कोरगांव आनी मानसवाडो धारगळ हांगा वीज ट्रान्सफॉर्मराचे उक्तावण केले.

देवसू ग्रामपंचायतीचे सरपंच श्री. रंगनाथ कळशावकर, पंच सदस्य श्रीमती प्रमिला देसाय, श्रीमती स्वाती पालयेकर, श्री. अब्दुल नाईक, पालवी अभियंते श्री.पी.ए.विलियम हे हयावेळार हजर आशिल्ले.

नवीन ट्रान्सफॉर्मर कार्यान्वित जाल्ल्यान देवसू वाठारांतल्या लोकांक सुरळीत वीज पुरवण जातली अशें सांगून श्री. आजगांवकर हांणी लोकांनी आपल्या वाठाराच्या विकासाखातीर सहकार्य करपाची मागणी केली.

ते उपरांत पर्यटन मंत्र्यान भटवाडी-विर्नोडा हांगा राखणे वण्टीच्या बांदकामाचो बुन्यादी फातर बसयलो.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1495